**10.04.2025** @ 7.25 **am**

आकाशवाणी पणजी

रश्मि **40**

पंचायत हद्दीत आशिल्लया घरांच्या दुरुस्तीक अर्ज केल्या उपरांत तीन दिसाभितर पंचायत सचिव ना हरकत दाखलो दितलो. पयली बशेन आता पंचायत बसके उपरांत वा बिडीओ कडल्यान ना हरकत दाखल्याची परवानगी घेवपाची गरज ना अशे मुखेलमंत्र दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सांगले

रश्मि **55**

पाच वर्साची घरपटी, घराचो फोटो, स्टरक्टरल स्टेबिलीटी अहवाल, जोडल्या उपरात ह्या घरांक थेट दुरुस्ती करपाक मेळटली. ही प्रक्रिया सुटसीटत करपाचो निर्णय आयच्या मंत्रिमंडळाच्या बसकेत जाला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. हे शिवाय गोय सरकाराच्या सक्रपात आशिल्या **250** गाडयांची पावणी सरकार करतले. ही पावणी पर्वरी, म़डगाव , म्हापसा हांग जातली अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

रश्मि **65**

आदीवासी समाजाक राजकी आरक्षण दीवपी विधेयक येता त्या जुलै म्हयन्यात चर्चेक येतले अशी म्हायती राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे हांणी दील्या. अर्थसंकल्पीय अधीवेशनात हे वीधेयक चर्चेत येवपाचे आसले,मात वक्फ विधेयकाक लागुन हे विधेयक चर्चेक येवपाचे उरले अशी म्हायती तानावडे हांणी दील्या. अर्थसंकल्पीय अधीवेशनात सदानंद शेट तानावडे हांणी **27** वेगवेगळ्या खात्या संदर्भातले **125** प्रस्न विचारील्ले.तांतुल्ले तारांकीत आनी अतारांकीत अशे **51** प्रस्नाची जाप आपणाक मेळ्ळा अशी म्हायती तांणी दील्या.

रश्मि **75**

**2037** मेरेन विकसीत गोय करपाच्या फांटभुयेर राज्य सरकारान गोंयकारा कडल्यान सुचोवण्यो मागयल्यात. गोंय साख्यीकी आनी मुल्यांकन खात्यान तयार केल्लो **QR code** च्या माध्यमातल्यान गोंयकार आपलयो सुचोवण्यो सरकाराक दींवक शकता. हो **QR Code goa online** ह्या संकेत स्थळाचेर तशेंच भौशीक सुवातीनी लायतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या. गोयात शेतकी मळ घटमुट करपाक, शिक्षण,गावगीरो वाठाराची उदरगत,बायलांचे सक्षमीकरण कोयर वेवस्थापन,भलायकी, नितळ ऊर्जा ह्या वीशयाचेर गोंयकारानी सरकाराक सुचोवण्यो **25** मे मेरेन दीवच्यो. अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या.

रश्मि **110**

पणजे भाजपाच्या सक्रीय कार्यकर्ता मेळाव्या वेळार उलयताना मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी कार्यकर्त्यांक सांगले की पक्षाचो कार्यकर्तो हो फकत कार्यकर्तो न्ही,जाल्यार तो पक्षाक घटमुट करपी फुडारी जांवन आसा **2027** विधानसभा वेंचणुकेत **27** परस चड आमदार वेचुन हाडपाची मोख भाजपाच्या कार्यकर्त्यांनी

दवरची.स्वयंपुर्ण गोंय,केद्रीय तशेच राज्य सरकाराच्या येवजण्याचो लाव गोंयकारा मेरन पावयात अशेय आवाहन मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार केले.. भाजपाचे सरकार उदरगतीक महत्व दीता अशे गोंय भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी म्हणले. 6 एप्रीलाक जाल्या भाजप पक्षाच्या संस्थापक दीसाच्या फांटभुयेर गोय भाजपान राज्यभर कार्यकर्ता मेळाव्याचे आयोजन केला. .ताचोच एक भाग म्हण सक्रीय कार्यकर्ता मेळाव्याचे आयोजन केल्ले.. ह्यावेळार प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक,लोकसभा खासदार श्रीपाद नायक,राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे,मंत्री रोहन खंवटे,बाबुश मोन्सेरात,आमदाराडीलायला लोबो,जेनीफर मोन्सेरात,प्रवीण आर्लेकार,रुदाल्फ फर्नाडीस,राजेश फळदेसाय,प्रेमेंद्र शेट तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.

सुभाष 90

करियर कंपास ह्या १२वे उपरांतच्या करिअर, स्पर्धात्मक परिक्षा, आनी शिश्यवृत्ती खातीर मार्गदर्शक पुस्तकाचे हालीच मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी लोकार्पण जाल्ले. हे पुस्तक आता सगळ्या उच्च माध्यमिक विद्यालयांक उपलब्ध केलां अशी म्हायती शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी दिल्या. उच्च शिक्षण संचालनालयाचे करीयर तज्ञ डॉ. महादेव गांवस हांच्या फुडारपणा खाला तयार जाल्ल्या ह्या पुस्तिकेत करीयरा विशी सगळी म्हायती उपलब्ध आसा अशेंय तांणी सांगले.

तापमान 50

राज्यात फुडले चार दिस 35-26 डिग्री सेल्सिअस तापमान आसतले आणि फुडले चार दिस हवामान वताळ आसतले. वारे वराक 45 ते 50किलो मिटर वेगान व्हावतले देखून नुसते मारानी खोल दर्‍यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला